# B.A. I SEMESTER END EXAMINATION, OCTOBER 2018

**Konkani (G.E)** **Vevharantli Konkani Bhas**

Duration : **2 Hours** Total Marks : **80**

---

सुचोवण्यो :- १) सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.
२) प्रस्ना सामकार दरेकल्याचे गुण आसात.

**प्र. १ सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो विस्तारान बरयात.** १६

अ) पेडण्याच्या सामाराची व्हडवीकाय बरोवपी शशिकांत पुनाजी हांणी कशें तरेन गायल्या?

ब) बरोवप्याक देवान खंयच्यो खंयच्यो गजाली फुकट दिल्यात? 'म्हाका सगळे फुकट मरे!' ह्या पाठाच्या आदारान बरयात.

क) 'कुळागर' पाठांतल्यान बरोवपी संजय तळवडकार हांणी ल्हानपणांतल्यों खंयच्यो यादी सांगल्यात?

ड) कोंकणी ही म्होवाळ आनी गोड भास अशें बरोवपी मुकेश थळी हांका कित्याक दिसता?

**प्र.२ सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो बरयात.** १६

अ) संजय कोमरपंत हांच्या 'शाबासकी' ह्या कथा संग्रहाचे प्रकाशन जावपाचे आसा अशें समजून ताचे आमंत्रण पत्र तयार करात.

ब) येत्या डिसेंबर म्हयन्यांत तुमच्या व्हडल्या भावाचे लग्नकार्य आसा अशें समजून ताचे आमंत्रण पत्र तयार करात.

क) तुमच्या आवय-बापायचो लग्नाचो पंचवीसावो वाडदिस आसा अशें समजून तांका परबीं दिवपी भेटकार्ड तयार करात.

ड) तुमच्या इश्ट/इश्टीणीक दिवाळेची परबीं दिवपी भेटकार्ड तयार करात.

**प्र. ३ सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोनांचे संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात.** १२

अ) 'कित्याक म्हणचें, त्या भटान सांगले म्हाका.'

ब) 'रडपाचो आवाज म्हजो तुमच्या कानाचेर कसो पडना?'

क) 'पूण एक दोन पिशीं सांगटा सोडल्यार, बाबड्याच्या हाताक कांयच लागना.'

(फाटल्यान पळयात)

**प्र.४ सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका प्रस्नाची जाप बरयात.** १२

अ) तुमच्या महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागान बाकीबाब बोरकार हांची जयंती कार्यावळ घडोवन हाडली अशें समजून ताची दिसाळ्या खातीर बातमी तयार करात.

ब) तुमच्या गावातले रस्ते पावसाक लागून व्हांवून गेल्यात आनी ताका लागून अपघात घडटात अशा आशयाची एक बातमी दिसाळ्या खातीर तयार करात.

**प्र. ५ सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात.** १२

अ) लेखक महाबळेश्वर सैल हांची मुलाखत घेवपी प्रस्नावळ तयार करात.

ब) 'हुंवार पीडीत केरळ राज्याक मदत करूया' ह्या विशयाचेर तुमी तुमच्या इश्ट/इश्टीणीकडे केल्ले संवाद बरयात.

**प्र. ६ अ) सकयल दिल्ल्या बरपाट्याचो कोंकणी अणकार करात.** ६

Food is essential for all living beings. Without food man cannot live long. Every man has to eat a certain quantity of food. If he eats less than that quantity his health will fail and he will fall ill. So every man has to eat enough food to live.

**ब) सकयल दिल्लो उतारो शुद्धलेखनाच्या नेमाप्रमाण शुद्ध करून परत बरयात.** ६

सुक कित्यात आसा हे समझून घेवप मत्वाचे आसा तश्शें पळयल्यार खंयचेय भायले गझालीत सुक वा दुख नासथा तर ते आपल्या आपल्या काळजा भितरच लिपिल्ले आसथा. सुक हे मागुन मिळपाची वस्थ नय्य, तर मन निथळ-निरमळ दवरल्यार सुक तुमचेलागी येता.

• • •

# B.A. I SEMESTER END EXAMINATION, OCTOBER 2018

**Konkani (G.E)** **Vevharantli Konkani Bhas**

Duration : **2 Hours** Total Marks : **80**

---

सुचोवण्यो :- १) सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.
२) प्रस्ना सामकार दरेकल्याचे गुण आसात.

**प्र. १ सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>दोन</u> प्रस्नांच्यो जापो विस्तारान बरयात.** १६

अ) गोंयांत एकदीस गोंयकारूच भायले जावपाची भिरांत आसा अशें बरोवपी उदय गुडे हांका खंयच्या करणांक लागून दिसता?

ब) कोंकणी ही नवलांची भास अशें बरोवपी मुकेश थळी कित्याक म्हणटात?

क) पेडण्याच्या सामाराची व्हडवीकाय बरोवपी शशिकांत पुनाजी हांणी कशें तरेन व्यक्त केल्या?

ड) लेखक संजय तळवडकार हांणी 'कुळागर' पाठांतल्यान आपल्या ल्हापणांतल्यो यादी कशें तरेन जागयल्यात?

**प्र.२ सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>दोन</u> प्रस्नांच्यो जापो बरयात.** १६

अ) विवेक नायक हांच्या 'गर्जन' ह्या कादंबरीचे प्रकाशन जावपाचे आसा अशें समजून ताचें आमंत्रण पत्र तयार करात.

ब) तुमच्या घरांत तुमचे व्हडले भयणीचें लग्नकार्य आसा अशें समजून ताचें आमंत्रण पत्र तयार करात.

क) तुमच्या इश्ट/इश्टीणीचो वाडदिस आसा अशें समजून ताका परबीं दिवपी भेटकार्ड तयार करात.

ड) तुमच्या महाविद्यालयातल्या एका शिक्षकाक राष्ट्रीय शिक्षक पुरस्कार फावो जाला अशें समजून तांका परबीं दिवपी भेटकार्ड तयार करात.

**प्र. ३ सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>दोनांचे</u> संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात.** १२

अ) 'पूण जिवीतांत फुकट कांयच ना?'

ब) 'ताळयां मदीं जळारा सापडटात आनी मरतात.'

क) 'न्हावपाक आयल्यात? आवयस! खावपाक बी घेवन मरे?

(फाटल्यान पळयात)

**प्र.४ सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>एका</u> प्रस्नाची जाप बरयात.** १२

अ) तुमच्या महाविद्यालयाच्या कोंकणी विभागान शणै गोंयबाब हांची जयंती कार्यावळ घडोवन हाडली अशे समजून ताची दिसाळ्या खातीर बातमी तयार करात.

ब) तुमच्या महाविद्यालयात कोंकणी गीत गायन सर्त जाली अशें समजून ताची दिसाळ्या खातीर बातमी तयार करात.

**प्र. ५ सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात.** १२

अ) एका नामनेच्या कोंकणी लेखकाची मुलाखत घेवपी प्रस्नावळ तयार करात.

ब) 'स्वच्छ भारत' ह्या विशयाचेर तुमी तुमच्या इश्ट/इश्टीणीकडे केल्ले संवाद बरयात.

**प्र. ६ अ) सकयल दिल्ल्या बरपाट्याचो कोंकणी अणकार करात.** ६

Television is one of the wonders of modern science. Many useful programmes on education, health agriculture are telecasted. Interesting plays and films are shown at regular intervals. It is used for commercial advertisement. It was invented by John Baird.

**ब) सकयल दिल्लो उतारो शुद्धलेखनाच्या नेमाप्रमाण शुद्ध करून परत बरयात.** ६

फाटले वर्ससावन तूमचे दीसाळे हाव नेमान आणी रूचिन वाचथा. वाचप्याक गीन्याण आनि मनोरंझन दीवन तांच्येकडेन तूमच्या दीसाळ्यान ऐक नेवे नाथें जोडला सदाच किथें तरि नेवे वाचुक मेळटले अशी खात्रि तूमचे दिसाले दिता.

● ● ●